Regional news 31st August 2025 7.25 am

महेश sir

2025-26 च्या पयल्या तिमाहींत भारताच्या जीडीपी वाढीन अजापीत केला, आणि ७.८ टक्के हो पाच तिमाहींतलो उच्चांक गाठला. 2026 वर्साच्या पयल्या तिमाहींत उत्पादनांत 7.7 टक्क्यांनी वाड जाल्या, जी फाटल्या तिमाहींत 4.8 टक्के अशिल्ली.2026 वर्साच्या पयल्या तिमाहींत बांदकामांत 7.6 टक्क्यांनी वाड जाली आनी ताका लागून एकंदर वाढीक हातभार लागलो. अर्थीक सेवा 9.5 टक्क्यांनीवाढल्या आनी वेपार, हॉटेलां, येरादारी आनी संचारणांत 8.6 टक्क्यांनी वाड जाल्या. शेतकी मळार 3.7 टक्क्यांनी वाड नोंद जाल्या.हालींच अमेरिकेन भारतीय निर्यातीचेर 50% शुल्क लादले तरी भारताची वाड पुराय वर्सा सरासरी सुमार 6.5% जावपाची शक्यताय आसा. सेवा क्षेत्राची स्थिर कामगिरी, वाडपी शेतकी उत्पन्न हाका लागून पुराय विकासाक चालना मेळता. अमेरिकेच्या हालींच्या दरवाडीच्या घोशणां सयत जागतीक स्तरार अडचणी आसून लेगीत गोंयांतली सर्वोच्च उद्देगीक संस्था म्हूण भारत प्रगती आनी लवचिकतेच्या अनुकरणीय मार्गाचेर चालू उरतलो असो आमकां विस्वास आसा अशे मत GCCIची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हानी उक्ताय्ला. Byte

---

सुशांत

राष्ट्रीय खेळां दीस 2025 उत्सवाचो एक भाग म्हूण काल दक्षिण गोंय जिल्ह्याच्या सरकारी अधिकाऱ्यां खातीर फिट इंडिया मिशनाच्या खाला बॅडमिंटन सर्त आयोजीत केल्ली. ह्या वेळार केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक हे मुखेल सोयरे म्हणून हाजिर आसले. भलायकी, फिटनेस, आनी अधिकाऱ्यां मदीं इश्टागत वाडोवपाच्या हेतान दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी, दक्षिण गोंय पोलिस आनी खेळां खात्यान जोड पालवान ही कार्यावळ घडोवन हाडली. ह्या वेळार दक्षिण गोयच्यो जिल्हाधिकारी एगना क्लीटस, दक्षिण गोय पुलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा, आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

---

Gdp

संवसारीक अनिश्चिततताय आसून लेगीत पयल्या तिमाहींत भारताची जीडीपी विकासदर 7.8% ही लवचीकतेचे ‘खूब बरी आनी अनपेक्षित" लक्षण’ अशें गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्रीचे पर्यटन समितीचे अध्यक्ष आनी गोवा ट्रॅव्हल अँड टुरिझम असोसिएशनाचे आदले अध्यक्ष निलेश शाह हांणी सांगलें. जानेवारी ते जून ह्या काळांत गोंयांत विक्रमी पर्यटक येवपाक लागले, जरी पावसाळ्यांत आनी गणेश चतुर्थीच्या काळांत पर्यटकांचो आंकडो उणो जालो अशें तांणी सांगलें. परिस्थिती सकारात्मक आसा, परकी पर्यटक येवपाचेय प्रमाण वाडत आसा अशें तांणी सांगलें. धोरणात्मक पाठबळ वाडोवपाचो उलो मारून शाहा हानी पर्यटनाक अर्थसंकल्पीय वाटप वाडोवपाची गरज उक्तायली. Byte

---

रश्मी

आंतरराष्ट्रीय व्हेल शार्क दिसा निमतान गोंयचे दर्यादेगेर वाइल्डलायफ ट्रस्ट ऑफ इंडिया, गोवा रान विभाग, नुस्तेमारी खातें आनी ओरेकल इंडिया हांचे वांगडा व्हेल शार्क संवर्धन प्रकल्प सुरू केलो.संवर्धन घटमूट करपा खातीर रान खात्याच्या अधिकारक्षेत्रांतल्या वन्यजीव संरक्षण कायदो, 1972 च्या अनुसुची 1 खाला संरक्षित केल्ल्या व्हेल शार्क आनी हेर धोक्यांत आशिल्ल्या जातींचो सोद घेवपी व्यक्तींक 75 हजार रुपया इनाम दितले.

---

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडांत चड  तापमान **31** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे तापमान **25** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला**.**

---

Sports

कझाकस्तानांतल्या शिमकेंट शारांत जाल्ले सोळाव्या आशियाई शूटिंग वस्तादपण सर्तींत भारतान इतिहासीक मार्गदर्शक तत्व साध्य करून **50** भांगरा पदकां मेळोवन इतिहास घडायलो .